**मुख्यमंत्र्याकडल्यन गोंय घटक राज्य दिसाची परबीं**

ता. 29 मे 2024

**37व्या गोंय घटक राज्य दिसा निमतान मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणी गोंयकारांक परबीं भेटयल्या.**

**आपल्या संदेशांत मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी म्हळा, 30 मे हो गोंयच्या इतिहासांतलो सगळ्यांत म्हत्वाचो दिस. 30 मे 1987 ह्या दिसा भारताचें पंचवीसावें राज्य म्हण गोंयाक पुराय तरेन मान्यताय मेळ्ळील्लो दिस. गोंयकारांची वेगळी अस्मिताय राखपा खातीर जायत्या गोंयकारांनी आनी देशभरांतल्या लोकांनी खास करुन सुटके झूजाऱ्यानी जायतो संघर्ष केल्लो. ह्या म्हत्वाच्या प्रसंगाचेर त्या सुटके झूजाऱ्याची याद करता जाणी गोंयमुक्ती उपरांत गोंय राज्य घडोवपाक अथक परिश्रम करुन गोंयाक घटक राज्य मेळोवन दिलें. लोकांच्या अंखड आदाराक आनी योगदानाक लागून गोंयची वेगवेगळ्या मळार आयज उल्लेखनीय प्रगती जाल्या अशें मुख्यमंत्र्यान आपल्या संदेशान म्हळा. ह्या वेळार आमी सगळी एका सुरान, नवे उर्बेन, तशेंच गोंय राज्याक प्रगती आनी उदरगतीच्या मार्गान मुखार व्हरपाखातीर निर्धारान वावुरया अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी निमाणेंकडेन म्हळा.**

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2024/243

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,Panaji – Goa.